# राज्यात 57 वो गोंय मुक्ती दीस मनयलो

ता. 19 डिसेंबर 2018
28 मार्गशीर्ष 1940

राज्यात आयज मोठ्या उमेदीन आनी उत्साहान 57 वो गोंय मुक्ती दीस मनयलो. कांपाल-पणजी हांगाच्या खेळां प्राधिकरण मैदानाचेर आयोजीत राज्य पातळीवयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी केली.

गोंयच्या लोकांक मुक्ती दिसाची परबीं भेटोवन डॉ. सावंत हांणी गोंयाक पोर्तुगिज राजवटीतल्यान मुक्त करपाखातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ले हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिक तशेंच गोंयात चाल करून येवन गोंयचेर ताबो मेळयिल्ल्या भारतीय सैन्य दळांच्या जवानांक नमन केले. भारत स्वातंत्र्याच्या 14 वर्सा उपरांत 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय पोर्तुगिजाच्या शेकातळातल्यान मुक्त जालें आनी देशाच्या मुखेल प्रवाहात सामील जालें. मुक्ती उपरांत गोंयान फाटल्या 56 वर्साच्या काळात मुळाव्यो साधनसुविधा, भलायकी, शिक्षण, शेती-बागायती आनी सामाजीक मळार दोळें दिपकावपी उदरगत केल्या.

राज्याच्या चौफेर विकासाखातीर गोंय सरकार नेटाचे यत्न करीत आसा. नव्या मांडवी पूलाचे बांधकाम निमण्या टप्प्यात पावलां. हो पूल येरादारीखातीर उक्तो जाल्या उपरांत पणजी शारांतलो येरादारीचो प्रस्न सुटावो जातलो. उत्तर आनी दक्षिण गोयाक जोडपी म्हत्वाच्या अशा जुवारी पुलाचेय बांधकाम नेटान सुरू आसा. वयले दोनूय पूल तयार जाल्या उपरांत आनी चालू आशिल्ल्या महार्गांचे काम सोपल्या उपरांत दक्षिणेकडल्या काणकोण सांवन उत्तरेकडल्या पेडणे मेरेनच्या येरादारींत बरीच सुधारणा आमका पळोवपाक मेळटली.

आमोणे ते साखळे, केरी ते तेरेखोल, कुडचडे ते सांगे, गालजीबाग आनी तळपण, रोखडोच उदघाटन जावपा आशिल्लो खांडेपार-फोंडा या न्हंयावेल्या पुलांक लागून गोंय आनी गोंयकारांक वाहातूक सुरळीत करून दिवपाचे आमच्या सरकाराचे यत्न आसात. तेभायर राष्ट्रिय महामार्ग, जिल्हो स्तरावेले म्हत्वाचे रस्ते, बायपास आनी हेर मार्गांचीय कामा नेटान सुरू आसात. गोंयच्या सगळ्या म्हत्वाच्या नुस्त्याच्या जेटींचे आधुनुकीकरण करपाचोय वावर नेटान सुरू आसा अशें तांणी सांगले.

डॉ. सावंत हांणी सांगले, रोजगाराच्यो संधी निर्माण करपाखातीर वेगवेगळ्यो योजना सरकारान मार्गाक लायल्यात. प्रधानमंत्री कौशल्य विकास योजनेखाला राष्ट्रिय कौशल्य विकास महामंडळाचेवतीन उद्योगांकडे संबंधित कौशल्य प्रशिक्षण दिवपाची कार्यावळ सरकारान सुरू केल्या. गोवा गुंतवणूक प्रोत्साहन विकास महामंडळ आयपीबीन जानेवारी ते डिसेंबर 2018 या वर्सांत 1 हजार 54 कोटींचे 16 प्रकल्पाक मान्यताय दिल्या आनी ताजेवरवी 2150 रोजगाराच्यो संधी निर्माण जातल्यो. गोंय राज्य हे आयटी हब जावपाचे नदरेंन म्हायती तंत्रगिन्यांन धोरण चालीक लायलां. गोंयचे आयटी क्षेत्रातले तरणाटे राज्याभायर वचचे न्हंय आनी तांच्या गिन्यानाचो, तांच्या कौशल्याचो, बुध्दिमत्तेचो वापर गोंयच्या विकासात जावचो हाजे खातीर सरकार प्रयत्नशिल आसून, गोवा स्टार्टअप 2018 सुरू केलां. तिसवाडी म्हालातलो चिंबल आयटी पार्क हें एक ताजे ज्वलंत उदाहरण आसा.

मुख्यमंत्री रोजगार योजने अंतर्गत शिकील्ल्या तरनाट्यांक स्वतःचो व्यवसाय सुरू करपाखातीर कमी व्याजदरांन रीणा सारक्यो विविध योजना सुरू आसात. जाचेवरवी बेरोजगारीची समस्या काय प्रमाणात सुटावी जावपाक मदत जाल्या. राज्यातल्या तरनाट्यांखातीर रोजगार आनी व्यवसायाच्यो संधी नदरेमुखार दवरून ह्यो योजना सरकारांन सुरू केल्यात आनी ताजो लाव तरनाट्यांनी घेवचो अशें आवाहनय तांणी केले.

फुडें उलयताना डॉ. सावंत हांणी सरकारान बांदकाम क्षेत्रातले कामगार, महिलांचे सबलीकरण, ज्येश्ठ नागरीकांच्या कल्याणाखातीर येवजणो चालीक लायल्या, अशें सांगले.

गोंय नितळ आनी सोबीत राखपाखातीर स्वच्छ भारत अभियान, स्मार्ट सीटी, प्लास्टीक बंदी अशा कार्यक्रमाची अंमलबजावणी करपां वांगडाच कोयर प्रक्रिया प्रकल्प उबारून गोंय कोरमूक्त करपाचे सरकारचे यत्न आसात अशेंय तांणी सांगले.

ह्या वेळार सभापती हस्तूकीं पूलीस, अग्निशमन सेवा खात्याचे जवान तशेंच समाज सेवक आनी दिव्यांगाक उत्कृश्ट सेवे खातीर पूरस्कार भेटयले.

सुवाळ्याक प्रमूख उपस्थितांमदी आयूषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, स्वातंत्र्य सैनिक, विद्यार्थ्यी आनी नागरीक हजर आशिल्ले.

सुरवेक मुख्य सचिव श्री. धमेंद्र शर्मा आनी पुलीस महासंचालक श्री. मुक्तेश चंदर हांणी सभापतीक सुवाळ्याच्या थळार येवकार दिलो.

डॉ. दयानंद राव हांणी सुवाळ्याचे सुत्रसंचालन केले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/प्रधु/2018/1829

## गोंयच्या विकासाखातीर आमी एकवटान काम करपाची गरज-श्री. खंवटे

ता. 19 डिसेंबर 2018
28 मार्गशीर्ष 1940

महसूलमंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी आयज म्हापशां आयोजीत गोंय मूक्ती दीस सुवाळ्यात स्वातंत्र्य सैनिकांच्या उगडासाक आर्गा ओपली आनी हो दीस आमका आमच्या स्वातंत्र्य सैनिकांनी गोंय मुक्ती खातीर केल्ल्या त्यागाचो उगडास करून दिता, अशें सांगले.

फुडें उलयताना श्री. खंवटे हांणी म्हणले, आयज आमच्या मुखार साबार आव्हाना आसात आनी ह्या आव्हानाक यशस्वीपणान तोंड दिवन गोंयची उदरगत करपा खातीर आमी एकजूटीन काम करपाची गरज आसा. मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांच्या फुडारपणाखाला गोंयान भरपूर उदरगत केल्या, अशेंय तांणी म्हणाले.

महसूलमंत्र्यान म्हापशें नगरपालिकेन प्लास्टिक बंदी लागू केल्ले खातीर नगरपालिका मंडळाचे अभिनंदन करून नियोजीत विकास, पर्यावरणाचो सांबाळ, पूर नियंत्रण आनी कोयराची समस्या सोडोवपाखातीर प्रत्येकान काळजी घेवपाची गरज आशिल्ल्याचे तांणी सांगले.

श्री. खंवटे हांणी गोंयात आयटी सारखे प्रदूषण न करपी उद्देग हांडपाची गरज उक्तावन आयटी उद्देग, स्टार्टअप येवजण आनी हेर प्रकल्पा वरवीं गोंयात रोजगाराच्यो संदी निर्माणा करप शक्य आशिल्ल्याचे सांगले.

सरकारान लोकांक वेगवेगळे दाखले सोपेपणी मेळोवपाखातीर केल्ल्या सुदारीत प्रक्रियेची म्हायती दितना धारबांदोडा आनी पर्वरी हांगा महसूल भवन उबारपाची येवजण आशिल्ल्याचेय महसूल मंत्र्यान सांगले.

सुवाळ्याक स्वातंत्र्य सैनिक, अधिकारी विद्यार्थ्यी आनी नागरीक हजर आशिल्ले. विद्यार्थ्यांनी विंगडविंगड सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/प्रधु/2018/1831

## पेडण्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात पर्यटन मंत्र्याहस्तूकीं तिरंगो बावटो हुबयलो

ता. 19 डिसेंबर 2018
28 मार्गशीर्ष 1940

आयज पेडण्या आयोजीत 57 व्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांचे हस्तूकीं राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो.

श्री. आजगावकर हांणी लोकांक मुक्ती दिसाची परबीं भेटोवन गोंय मुक्ती खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करून आर्गां ओपली.

श्री. आजागावकर हांणी पेडणे म्हालातल्या नियोजीत आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियम, मोपा विमानतळ, रविंद्र भवन, आयूष केंद्र आनी हेर प्रकल्पांचो उल्लेख करून सरकारान मुक्ती उपरांत शिक्षण, भलायकी, कला-संस्कृती, खेळ, पर्यटन, म्हायती तंत्रज्ञान अशा मळाचेर म्हत्वाची उदरगत केल्या म्हणपाचे सांगले.

गोंय हे देशी तशेंच विदेशी पर्यटकांचे आकर्शण आसून गोंयची सैमीक सोबीतकाय आनी संस्कृती पर्यटकांक भुरळ घालता, अशेंय पर्यटनमंत्र्यांनी सांगले.

ह्या वेळार उपस्थितामदी नगराध्यक्षा श्रीमती सुविधा तेली, श्री. राजेश आजगांवकर, मामलेदार श्री. धिरेन बाणावलीकर, जोड मामलेदार श्री. राजाराम परब, नगरसेवक, विद्यार्थ्यी आनी नागरीकांचो आस्पाव आशिल्लो.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/प्रधु/2018/1832

**<u>राज्याच्या उदरगतीखातीर सरकार बटीबद्द आसा- श्री. गुदिन्हो</u>**

ता. 19 डिसेंबर 2018
28 मार्गशीर्ष 1940

सरकार राज्याच्या सर्वांगीण विकासा खातीर कटीबद्द आसून मुक्ती उपरांच्या काळात राज्यान शिक्षण, भलायकी आनी साधनसुविधांच्या मळार केल्ली प्रगती उल्लेखनीय आसा आनी अशा उदरगतीक लागून गोंयाक साबार पुरस्कार फावो जाल्ले आसा, अशें पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी आयज वास्को हांगा गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय बावटो हुबयले उपरांत उलयताना सांगले.

सरकारान समाजाच्या कल्याणाखातीर आनी खास करून गरीब लोकांच्या फायद्या खातीर साबार कल्याणकारी येवजणांची अमलबजावणी केल्या. गोंयातलो येरादारीचो प्रस्न सुटावो जावचो म्हुण राष्ट्रीय महामार्गा सयत मांडवी, जुवारी आनी हेर पूलांचे बांदकाम नेटान चालू आसा, अशेंय तांणी म्हणले.

राज्यातल्या बेरोजगार तरणाट्याक रोजगाराच्यो संदी उपलब्ध करपा वांगडाच लोकांच्या जीणेचो दर्जो सुदारपाखातीर सरकारान वेगवेगळ्यो साधन सुविधा निर्माण करपाचेर भर दिल्लो आसा, अशें सांगून श्री. गुदिन्हो हांणी गोंयच्या लोकांनी शांतीकाय आनी सलोखो राखून सरकाराक उदरगतीची कामां पूर्ण करपाक सहकार्य दिवपाची मागणी केली.

सुरवेक शाळांचे विद्यार्थ्यी आनी पुलीसांच्या पंगडान संचलन केले.

उपजिल्होधिकारी श्री. महादेव आरोंदेकर, मामलेदार श्री. रविशंकर निपाणीकर, श्री. सतीश प्रभू, हेर अधिकारी आनी नागरीक सुवाळ्याक हजर आशिल्ले.

खेळा अधिकारी श्री. उमेश डिचोलकर हांणी मानेस्तांचे स्वागत केले आनी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/प्रधु/2018/1833

## फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर गोंय मुक्ती दीस मनयलो

ता. 19 डिसेंबर 2018
28 मार्गशीर्ष 1940

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांच्या मार्गदर्शनाखाला सरकारान राज्यात म्हत्वाची उदरगत केल्या. मुळाव्यो साधन सुविधा आनी शिक्षण क्षेत्रासयत कला आनी संस्कृती, खेळ आनी पर्यटन मळार सरकारान भरीव प्रगती केल्ली आसा. विकास ही सतत चलपी प्रक्रिया आनी ह्या विकासाचो वेग वाडोवपाखातीर लोकांचे सहकार्य म्हत्वाचे आसा, अशें भौशीक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर हांणी आयज फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर आयोजीत 57 व्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात उलयताना सांगले.

फोंडेचे आमदार श्री. रवी नाईक, 6 टीटीआरचे कमांडन्ट मेजर दिक्षा गुप्ता, नगरसेवक, सरपंच, पंच, सरकारी अधिकारी, विद्यार्थ्यी आनी नागरीक सुवाळ्याक हजर आशिल्ले.

राज्यात बांदकाम चालू आशिल्ल्या कांय म्हत्वाच्या प्रकल्पाच्या विकास कामाचो नियाळ घेतना श्री. ढवळीकर हांणी सांगले, खांडेपार पूलाच्या पयल्या टप्प्याचे उक्तावण ता. 23 डिसेंबर दिसा जातलें. तशेंच दुसऱ्या टप्प्याचे बांदकाम मार्च 2019 मेरेन पूर्ण जातलें. तिसरो मांडवी पूलय रोकडोच सूरू जातलो. जुवारी पूलाचे बांदकाम नेटान चालू आसा, अशेंय तांणी सांगले.

एनआयटी, आयआयटी ह्यो संस्था शिक्षणाच्या मळावयल्या विकासाक म्हत्वाच्यो थारल्यात. लोकांक 24 वरां उदक पूरवण करप, सिव्हेज प्रक्रिया प्रकल्प आपले प्राधान्य आशिल्ल्याचेय तांणी सांगले.

श्री. ढवळीकर हांणी पोर्तुगिजाच्या वसणूकवादातल्यान गोंयाक मुक्त करपाखातीर लढो दिल्या हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो उगडास करून तांच्या त्यागाक लागून आमी आयज हो उमेदीचो दीस मनयतात, अशें सांगले.

सुरवेक मानेस्तांनी क्रांती मैदानावयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर फुलां ओपून हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपली. राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत मंत्र्यान संचलनाची पळोवणी केली.

फोंडे वाठारातल्या वेगवेगळ्या शाळांच्या भुरग्यांनी सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केलो. श्री. गिरीष वेळगेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/प्रधु/2018/1830

## स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो उगडास करपाची गरज आसा – श्री. काब्राल

ता. 19 डिसेंबर 2018
28 मार्गशीर्ष 1940

आमच्या मायभुंयेच्या स्वातंत्र्या खातीर धाडशी स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांनी केल्ल्या महान त्यागाचो उगडास करून तांका अभिवादन करपाची गरज आसा, अशें वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल हांणी आयज केपेच्या सरकारी खेळां प्रकल्पात आयोजीत गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत उलयताना सांगले.

गोंय मुक्ती दीस हो इतिहासीक दीस आनी तो आमी आयज स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाक लागून मोठ्या उमेदीन मनयतात. तांच्या त्यागाक लागून गोंय पोर्तूगिज राजवटीतल्यान मुक्त जावन देशाच्या मुखेल प्रावाहात सामील जाले, अशें श्री. काब्राल हांणी सांगले.

श्री. काब्राल हांणी लोकांक बऱ्या गजालीकडेन सकारात्मक रावन सरकाराक फुडल्या उदरगतीखातीर सहकार्य करपाचो उलो मारलो. आयज आमी स्वतंत्र आसून आपली आनी राज्याची तशेंच देशाची उदरगत करपाखातीर सकारात्मक दृश्टीकोन बाळगूपाची गरज आसा. आमी भ्रश्टाचार, घुवळीं वखदांचे व्यसन, वायट प्रवृत्ती पासून पयस रावन समाजात शांतीकाय आनी सलोखो राखपाक योगदान दिवपाक जाय, अशेंय श्री. काब्राल हांणी सांगले.

उपजिल्होधिकारी श्री. रोहित कदम, मामलेदार श्री. प्रतापराव गावकर, पुलीस उपअधिक्षक श्री. उत्तम राऊत, हेर अधिकारी, नागरीक आनी विद्यार्थ्यी सुवाळ्याक हजर आशिल्ले.

पुलीस पंगड आनी विद्यार्थ्यांनी सुवाळ्यात संचलन केले. श्री. प्रदीप शिरवयकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/प्रधु/2018/1834